20 April 2025 सकाळी - 8.40

आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं

मुखेल खबरो

- भारतीय जनता पक्षान, पक्षाच्या दोन खासदारांनी, सर्वोच्च न्यायालयाचेर केल्ले वादग्रस्त विधान न्हयकारला. हीं तांचीं वैयक्तीक विधानां आसात, अशें भाजपान म्हळां.
- अस्तंत बंगालचे राज्यपाल सी. व्ही. आनंद बोस हाणी सांगला, कि मुर्शिदाबाद हांगा जाल्ले हिंसाचाराचे घडणूकेविशीं, ते केंद्र सरकाराक अहवाल सादर करतले.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मंगळारा, साउदी अरेबियाच्या दोन दिसांच्या भेटीचेर, जेद्दाह हांगा पावतले.
- आयज संवसारभर पासकांची परब मनयतात. राष्ट्रपतीं आनी उपराष्ट्रपतींनी देशवासियांक परबी दिल्या.
- आयपीएल क्रिकेटांत काल, लखनौ सुपर जायंटसान, राजस्थान रॉयल्साक, फकत 2 धांवड्यांनी हारयलो.

-----------------------------

नड्डा -

भारतीय जनता पक्षान, सर्वोच्च न्यायालयाचेर आनी भारताच्या मुखेल न्यायाधीशा विशीं पक्षाचे खासदार निशिकांत दुबे आनी दिनेश शर्मा हांणी केल्लीं वादग्रस्त टिप्पणीं, पुरायपणान न्हयकारल्या. तशेंच दोनूय खासदारांक, अशीं विधाना करप, टाळपाक सांगलां. सोशल मिडियाचेर भाजपाचे अध्यक्ष जे.पी. नड्डा हाणी म्हणलें, कि हीं तांचीं वैयक्तीक विधानां आसात. आनी भाजपा अशा

विधानांक मान्य करीना आनी तेंकोय दिना. नड्डा हांणी मुखार सांगलें, कि भारतीय जनता पक्षान न्यायवेवस्थेक सदांच मान दिला, आनी ताचे आदेश आनी सुचोवण्यो खोशीन मान्य केल्यात. देशांतलीं सगळीं न्यायालयां आमच्या लोकशायेचो एक अभिन्न भाग आसात आनी संविधानाच्या संरक्षणाचो एक घटमूट खांबो आसा, अशें पक्ष मानता, अशेंय नड्डा हांणी सांगलें.

-----------------------------

PM साउदी -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मंगळारा, साउदी अरेबियाक दोन दिसांच्या भेटीचेर, जेद्दाह हांगा पावतले. ही चार दशकां परस चड काळां उपरांत, भारतीय प्रधानमंत्रीची ह्या शाराक, पयली भेट आसा. भारत-साउदी अरेबिया हांचे मदले संबंद आनीक सुदारप अर्थीक, संरक्षण आनी संस्कृतीक सहकार्याच्या व्यापक रणनिती भागीदारीचेर हि भेट, भर दितली. ही भेट खास करून म्हत्वाची आसा, कारण आदल्या भारतीय प्रधानमंत्रींच्यो भेटी, रियाधांतच मर्यादीत आशिल्ल्यो. जेद्दाह शाराक भेट दिवपी, निमणी भारतीय प्रधानमंत्री, 1982 वर्सा, इंदिरा गांधी आशिल्ली. इस्लामांतलीं दोन पवित्र मक्का आनी मदीना ह्या शारांक, जेद्दाह हे प्रवेशद्वार आसा.

-----------------------------

गव्हर्नर केंद्र -

अस्तंत बंगालचे राज्यपाल सी व्ही आनंद बोस हाणी सांगला, कि मुर्शिदाबाद हांगा जाल्ले हिंसाचाराचे घडणूकेविशीं ते केंद्र सरकाराक अहवाल सादर करतले. तशेच मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी हांचे कडेन लेगीत, हेविशीं चर्चा करतले. मुर्शिदाबाद जिल्ह्यांतल्या, हिंसाग्रस्त वाठारांक भेट दिल्या उपरांत, परतून कोलकाता वतना, राज्यपालांनी प्रसार माध्यमांक हि म्हायती दिली. बाधित

लोकांचेर हल्ले जाल्यात. सुसंस्कृत समाजांत, अशे हल्ले मान्य नात. ही गजाल मुख्यमंत्र्या कडेन तशेंच केंद्र सरकारा कडेन पावयतले. तशेंच लोकांची राखण करप ही केंद्र आनी राज्य दोनूय सरकारांची, जापसालदारकी आसा, अशेंय राज्यपालांनी सांगलें. केंद्रीय सशस्त्र पुलीस दळ तैनात केल्ल्यान, हिंसाग्रस्त वाठारांनी परिस्थिती व्हड प्रमाणांत सुदारल्या, अशेंय, राज्यपाल बोस हांणी सांगलें.

----------------------------

FM Sitharaman-

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण आयज सावन, अमेरिका आनी पेरूच्या अधिकृत भेटेर वतल्यो. अमेरिकेंतल्या सॅन फ्रांसिस्कोंत, दोन दिसांत, मंत्री सीतारामन स्टॅनफर्ड विद्यापिठांतल्या, हूवर इन्स्टिट्यूशनांत मुखेल भाशण दितल्यो. तशेच नामनेच्या निधी वेवस्थापन फर्मांतल्या मुखेल सीईओ कडेन संवाद सादतल्यो. ते भायर मुखेल म्हायती तंत्रज्ञान फर्मांतल्या, सीईओ कडेन द्विपक्षीय बसका घेतल्यो. तशेंच मंत्री सीतारामन भारतीय प्रवासी लोकांचो आस्पाव आशिल्ल्या कार्यावळींत वांटो घेवपाच्यो आसात आनी थंय स्थायीक जाल्ल्या भारतीय समाजा कडेन संवाद सादतल्यो. ह्या म्हयन्याच्या 22 तारखे सावन, वॉशिंग्टनाक भेट दितना अर्थमंत्री, आंतरराष्ट्रीय चलन निधी आनी संवसारीक बँकेच्या बसकांनी वांटो घेतल्यो. मजगती, 26 एप्रील सावन पेरूक पयलेच खेपे भेट दितना, मंत्री सीतारमण, अर्थ मंत्रालयाच्या अधिकारी आनी वेवसायीक फुडाऱ्यांच्या, भारतीय शिश्टमंडळाचें फुडारपण करतल्यो. तशेच दोनूय राश्ट्रां मदले द्विपक्षीय, अर्थीक आनी वेपारी संबंद घटमूट करपाचेर भर दितल्यो.

----------------------------

भाजपा वाकफ मोहीम -

वक्फ (दुरुस्ती) कायद्याच्या, फायद्या विशीं जागृताय करपा खातीर, भारतीय जनता पक्ष आयज सावन, 'वक्फ सुधार जन-जागरण अभियान' हि मोहीम देशभरांत सुरू करता. फुडल्या म्हयन्याचे 5 तारखे मेरेन, ही मोहीम चालू उरतली. मोहिमे खाला भाजपाचे फुडारी आनी कार्यकर्ते, मुसलमान समाजाक भेट दितले आनी तांकां दुरुस्ती केल्ल्या कायद्या विशीं जागृत करतले. भाजपाचे अध्यक्ष जेपी नड्डा हांणी, ह्या म्हयन्याच्या १० तारखेक नवी दिल्लीतल्या मुख्यालयांत, पक्षाचे पदाधिकारी आनी देशभरांतले हेर लोक हाजीर आशिल्ले कार्यशाळेत, हे मोहिमे विशी जाहीर केल्लें. तशेंच विरोधी पक्षांनी, मत-बँक राजकारणाचो एक भाग म्हूण, दुरुस्ती कायद्याच्या तरतुदीं विशीं, मुस्लिम समाजाक चुकीची वाट दाखयल्या, असो आरोप नड्डा हांणी केल्लो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खालचे सरकार, वक्फाच्या मालमत्तेचें पारदर्शक आनी कार्यक्षम वेवस्थापन करून, कल्याणकारी कार्यावळी करपाक कटिबद्ध आसा, अशेंय तांणी स्पश्ट केले

----------------------------

ईस्टर -

आयज संवसारभर पासकांची परब मनयतात. देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी हो दीस मनोवपा खातीर, इगर्जेनी खाशेलें मिस जाता. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर हाणी, ह्या निमतान नागरिकांक, खासा करून भारतांत आनी परदेशांत रावपी क्रिस्तांव समाजाक, परबीं दिल्यांत.

----------------------------

AarchBishop Goa 45

आर्चबीशप फीलीप नेरी फेर्राव हांणी समेस्त गोयकारांक पास्काच्या परबेच्या फांटभुंयेर परबी दील्या. जेजुचो पुर्नजल्म म्हणल्यार मरणाचेर जैत जांवन आसा अशे तांणी म्हणला. समाजान एकचार सामाळात,गरजेवंताक आधार दीयात,तशेंच सृश्टीचो सामाळ करात असो संदेश ह्यावेळार आर्चबीशपान दीला.गोंयात एक बरो समाज घडोवपाक सगल्यानी एकचारान शांतीकायेन रावचे अशे तांणी म्हणला.

-----------------------------

कर्नाटक आर्यभटा -

जवाहरलाल नेहरू प्लॅने-टोरीयमांन, काल बेंगळुरूंत, भारताचो पयलो उपगिरो, आर्यभटाच्या प्रक्षेपणाची 50 वर्सां मनयलीं. भारतीय अंतरिक्ष संशोधन संस्थेन, 19 एप्रिल 1975 ह्या दिसा, रशियेंतल्यान आपलो पयलो उपगिरो प्रक्षेपित केल्लो. 50 वर्सां मनोवपाखातीर जमिल्ल्या, शाळेच्या भुरग्यांक संबोधीत करतना, इसरोचे आदले अध्यक्ष ए. एस. किरण कुमार हांणी, भारतान आर्यभाटासावन आपलो अंतरिक्ष प्रवास कसो सुरू केलो आनी सुरवेक हेरां कडल्यान शिकून, आयज भारत देश आपली तांक दाखोवपाक, पयल्या चार देशांमदीं कसो उदेला, तें स्पश्ट केलें. तशेच देशांतल्या अंतराळ तंत्रगिन्यानाच्या उदरगतीविशी सांगले.

-----------------------------

IPL –

आयपीएल टी-20 क्रिकेटांत काल रातीं जयपूरात सवाई मानसिंह स्टेडियमांत जाल्ल्या मॅचींत लखनौ सुपर जायंटांनी राजस्थान रॉयल्साक फक्त 2 धांवड्यांनी हारयलो. दुसरे खेळांत गुजरात टायटन्सान अहमदाबादांत दिल्ली कॅपिटल्साक 7 विकेटींनी हारयलो.

-----------------------------

ISSF –

नेमबाजीत, भारतीय नेमबाज अर्जुन बाबुता पेरूच्या शारांत जाल्ल्या ISSF विश्वचषक २०२५ त शारांत जाल्ल्या इतिहासीक भांगरा पदक मेळोवंक थोडक्यात हुकला. १० मीटर एअर रायफलच्या अंतिम फेरीत तो चीनच्या ऑलिंपिक चॅम्पियन लिहाओ शेंगपेक्षा फक्त ०.१ गुणांनी फाटी उरलो. बाबूताक रुप्या पदकाचेर समाधान मानचें पडलें. बायलांच्या 10 मीटर एअर पिस्तूल फायनलींत सुरुचीन 243.6 गूण मेळोवन मंचाचेर पयलें स्थान मेळयलें

**आनी भारताच्या शूटिंग स्टार मनु भाकरान 242.3 गूण मेळोवन रुप्या पदक मेळयलें.**

**----------------------------**

**आयएमडी हवामान -**

**भारतीय हवामान खात्यान, फाल्यां जम्मू-काश्मीर-लद्दाख-गिलगित-बाल्तिस्तान-मुझफ्फराबाद वाठारांत, चडशा सुवार्तींनी मध्यम प्रमाणात, पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. फाल्यां मेरेन, उत्तराखंड आनी हिमाचल प्रदेशांतय असोच पावस पडपाचो अदमास आसा. फुडल्या पांच दिसांत अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालयात लेगीत, व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा, अशें आयएमडीन सांगलां. फुडले 3 दिस विदर्भांत, उश्णतायेच्या ल्हारांची परिस्थिती कायम आसतली. आयएमडीन मध्य महाराष्ट्रात, आनी बिरेस्तारा मेरेन गुजरातांत उश्ण आनी दमट हवामान पातळटलें, असो अदमास उक्तायला. मजगतीं, राष्ट्रीय राजधानी दिल्लीच्या लागसारच्या वाठारांनी, आयज सकाळीं सामान्य हवामान, नोंद जालां.**

**----------------------------**